**उपराष्ट्रपतीची गोंय भेट**

**रस्त्याकडेक वाहनां पार्क न करपाची विनवणी**

ता. 26 ऑक्टोबर 2021

भारताचे उपराष्ट्रपती श्री. एम. वेंकय्या नायडू हे 27 ते 30 ऑक्टोबर 2021 काळाखातीर गोंय राज्याच्या अधिकृत भेटीर येवपाचे आसात. उपराष्ट्रपतीच्या वाहनांचो ताफो ज्या रस्त्यान यो-वच करतलो त्या रस्त्याकडेक लोकांनी आपली वाहनां पार्क करची न्हय, अशीं विनवणी केल्या. तशेंच सुरक्षेच्या कारणाखातीर वेगळ्यावेगळ्या जाग्यांचेर येरादारी थांबोवपात येतली. ता. 27 ऑक्टोबर आनी 30 ऑक्टोबर दिसा आएनएस हंसा विमानतळ ते राजभवन (एअरपोर्ट जक्शन, ग्रेड सेपरेटर, चिकली सर्कल, चिकली पंचायत, कुट्ठाळी जंक्शन, आगशी जंक्शन, शिरदोन, जीएमसी बांबोळी, गोंय विद्यापीठ रस्तो, एनआयओ सर्कल ते राजभवन रस्तो) आनी ता. 28 ऑक्टोबर दिसा राजभवन ते संत सोहिरोबानाथ आंबीये सरकारी महाविद्यालय, विनोर्डा-पेडणे (एनआयओ सर्कल, गोंय विद्यापीठ रस्तो, जीएमसी बांबोळी, मेरशी जंक्शन, अटल सेतू, ओ कोकेरो सर्कल, सुकुर जंक्शन, ग्रीन पार्क जंक्शन, करासवाडो उड्डाण पूल, कोळवाळे पूल, धारगळ टोल नाको, कुळण उड्डाण पूल, रेडकर हॉस्पिटल, संत सोहिरोबानाथ आंबीये सरकारी महाविद्यालय, विनोर्डा-पेडणे) असो अतिमहनीय व्यक्तिच्या प्रवासाचो मार्ग आसतलो.

उपराष्ट्रपतीच्या वाहनांच्या ताफ्याक सुरळीत मार्ग उपलब्ध करून दिवपा खातीर लोकांनी सहकार्य करचे. रस्त्याकुशीक सोडून दिल्ले खंयचेय वाहन दिसल्यार ते ओडून कुशीक काडटले. तशेंच विमानतळार वचपी प्रवाशांनी हाची नोंद घेवन आपल्या प्रवासाची वेळ थारावची, अशेंय कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/885

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji